# कोरोना दुयेंसाआड खबरदारी घेवपाचो भलायकी खात्याचो सल्लो

ता. 17 फेब्रुवारी 2020

भलायकी सेवा संचालनालयान चीनांत पातळील्ल्या कोरोना व्हायरस संसर्गाक लागून चीन आनी हेर अनेक देशातल्यान येवपी भोंवडेकार आनी प्रवाशांबाबतीत खबरदारी उपाय घेवपाचो सल्लो दिला. तशेंच भारतीय प्रवाशांनी चीनांत वचपाचे टाळपाचोय सल्लो दिला.भलायकी सेवा संचालनालयान चीनांतल्यान येवपी भोंवडेकारांनी दुयेंसाविशीं कळोवपाचे, घरात रावपाचे, घरात खास करून वेगळ्या आनी खेळटी हवा आशिल्ल्या कुडींत रावपाचो सल्लो दिला. कुटुंबातल्या हेर सदस्यांचो वावर आशिल्ल्या कुडींत वचपाचे टाळचे, हेरांच्या फुड्यांत वचपाचे टाळचे, हे टाळप शक्य नासत जाल्यार सदाच दोन मिटर अंतर राखचे, कोणाकय भेट घेवपाक दिवची न्हय, परत परत तोंडाक हात लावपाचे टाळचे, हाताक हात दिवपाचे टाळचे, साबणान आनी उदकान परत परत हांत नितळ धुंवचे, साबण आनी उदक उपलब्ध नासल्यार विकत मेळपी हांत पुसण्याचो वापर करचो, भरपूर प्रमाणात पातळ पदार्थ घेवचो, जोर, खोकली वा स्वास घेवपाक त्रास जावपाचे लक्षण दिसल्यार लागीच्या सरकारी भलायकी केंद्रात वचून भलायकेची तपासणी करून घेवची.

राज्यात आतामेरेन एकय कोरोना व्हायरसाची लक्षणा दिशील्लो दुयेंती सापडूक ना. चीनांतल्यान प्रवास करून आयिल्ल्या 46 प्रवाशांक निरीक्षणाखाला दवरून 6 जाणांचे नमुने घेवन पुण्यात तपासणी खातीर धाडले. सगळे 6 नमुने नेगेटिवह आयले. दाबोळी विमानतळाचेर तशेंच बंदरांचेर प्रवाशांची तपासणी करतात. दुबावीत दुयेंतीक दवरपा खातीर गोंय वैजकीय महाविद्यालयात वेगळ्या कुडींची वेवस्था केल्या तशेंच चीनांतल्या येवपी दुबावीत प्रवाशांक दवरपा खातीर चिकलीच्या उपजिल्हा हॉस्पिटलात वेगळ्या वार्डाची वेवस्था करून दवरिल्ली आसा, अशेंय भलायकी खात्यावतीन कळोवपात आयला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/147

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA